

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय १८ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः ॥ जय सद्गुरू परम [१]नित्या । जय सद्गुरू ब्रह्मसत्या । जगाचें पोकेपण अणभवान दाखयता । मायानियंत्या जय जया ॥१॥ जय जयाजी अनादी अनंता । जय जयाजी [२]द्वंद्वातीता । जय जयाजी दोश [३]रहिता । स्वरूप दाखोवपी तूं एक ॥२॥ न्हावंक जर गेली दर्यांत । येतली व्हय मिठाची कणी परत । हें घडना केन्नाच । तुजे बाबतिंतूंय तशेंच ॥३॥ वेदश्रुती पसून ज्या विशयांत । चर्चा करतात दीसरात । दिसना तें पसून तुमी दाखयतात । बोटानूच सहजतायेन भक्तांक ॥४॥ आयलोच जर दैवाचो योग । पडल्यार पुरो तुजो रेवाडो एक । हो आपलो, तो परको ह्या दुबावाक । उरना सुवात तेन्ना थंय ॥५॥ फाटल्या अध्यायांत कथा पावन । ब्रह्मगुंडाळ्याचें आविश्करण । ब्रह्मार्थ्याचें हावरटपण । मोडून काडलें तें सांगलें ॥६॥ आतां म्हज्या अनुग्रहाची कथा । आयकात तुमी आदरान श्रोता । तातूंतल्यान बाबांची मार्गदर्शकता । अणभवाक येतली तुमच्याय ॥७॥ हीय आसा गोड वार्ता । जशी घडली तशीच सांगतां । तुमी सादूंक तुमच्या हिता । आयकुची शांत चित्तान ॥८॥ आसतकूच आयकुपी [४]सादर । सांगप्याकूय खोस आनी आदर । काळजांत ताच्या प्रेमाचो पाझर । खोस दोगांकूय उपाट ॥९॥ करिनासतना बुद्दीभेद कुसकूटभर । जसो जाचो अधिकार । तसोच ताका मार्ग साचार । दिवन उपदेश दाखयतात ॥१०॥ बऱ्याच जाणांचें आसता मत ।

---

१. नाशरहिता. २. झगडें नाशिल्ल्या. ३. निर्विकार. ४. भावार्थी.

गुरून जें सांगलां कानांत । तें दवरचें कायम गुपीत । वता फुकट गुरूवाणी ॥११॥ हें फकत कल्पनेंतलें । बेठेंच लोकांनी घडयिल्लें । प्रत्यक्षूच कित्याक, सपनांत पसून जें दाखयिल्लें । सांगीत सद्बोधक सगल्यांक ॥१२॥ मानशात जरीय हें अप्रमाण । बुधकौशीक ऋषीक जे तरेन । रामरक्षा दिक्षेचें सपन । केलें कथन तांणी सगल्यांक ॥१३॥ गुरू वर्सांवर्सांचें धन । खोसयेन शिंवरतात स्वानंदजीवन । तें कितें दवरूंक गच्च भरून । स्वता भरून मागीर वांटपाचें ॥१४॥ भुरग्याच्या धरून तोंडाक । आवय ताची भलायकी राखूंक । मायेन दिता वखद पियेवंक । तीच पद्दत बाबांची ॥१५॥ मार्ग तांचो नासलो गुप्त । खंयच्या रुपान कसो अचकीत । भक्तांचो हेत पूर्ण करीत । आयकात तें सादूर चित्तान ॥१६॥ धन्य धन्य सद्गुरू संगती । कोण सांगूंक शकत तिची महती । याद जातकूच तांची एकएक उक्ती । येता निजस्फुर्ती उचांबळून ॥१७॥ प्रेमान करतकूच ईश्वरार्चन । गुरूसेवा गुरूपुजन । जातलें गुरूज्ञान संपादन । हेर साधनां पोकीं थंय ॥१८॥ भ्रम आनी आवरण । तातूंत हो मार्ग [1]संकीर्ण । गुरूवाक्य दीप कीर्ण । विघ्न विरयत मार्गदर्शक ॥१९॥ गुरू प्रत्यक्ष ईश्वर । ब्रह्मा विष्णु महेश्वर । गुरूच खरेपणीं परमेश्वर । ब्रह्म परात्पर गुरूराय ॥२०॥ गुरू आवय गुरू पिता । देव तिडकता तेन्ना गुरू सांबाळटा । गुरू तिडकता तेन्ना तारपी नासता । दवरचें लक्षांत सदांच ॥२१॥ गुरू दर्शक प्रवृत्तीचो । तीर्थव्रत निवृत्तीचो । धर्म अधर्म विरक्तीचो । वेदश्रुतीचो प्रवक्तो ॥२२॥ उगडून बुद्दीचे दोळे । संत दाखयतात निजरूप सुवाळे । पूर्ण करतात भक्तीचे दुवाळे । भोव कोमलतायेन दयाळू ॥२३॥ तातूंतल्यान विशयवासना निवळटा । न्हिदांतूय ज्ञानूच बडबडटा । कृपेच्या बळान हाताक मेळटा । विवेक वैराग्य हीं फळां दोनूय ॥२४॥ जातकूच पवित्र [2]समागम । संतसेवा संतप्रेम । स्वता

१. एकामेकांत भरसल्ले. २. सांगात.

[1]भक्तकामकल्पद्रुम । श्रम सगले निवारता ॥२५॥ सदांच आसचें पवित्र तल्लीन । संतकथा घेवच्यो आयकून । धरचे संतांचे चरण । धुवून वतलीं पापां सगलीं ॥२६॥ लॉर्ड रे जेन्ना वाठाराचे अधिपती । क्राफर्डशाय जांणी घाली पालथी । तेन्नाचे ते एक फामाद व्यक्ती । लागले भक्तीक बाबांचे ॥२७॥ हो संवसार बिंवसार सगलें फट । वेपार धंद्यांत आयली [2]तूट । उबगलें मन आयलो वीट । लागले तांबयो घेवन वाटेक ॥२८॥ मन जाल्लें सामकें चंचल । दिसतालें वच्चें भोंवडेक सरळ । रावचें सुखान एकल्यानूच सर्वकाळ । केलो ठाम विचार असो ॥२९॥ जीव संकश्टांत पडटा जेन्ना । देवाचो उगडास जाता तेन्ना । मागीर तो भक्त नामस्मरणा । लागता फाटीक देवाचे ॥३०॥ पूण लागले बगर सुकती पापांक । देवाचो उगडास जायना कोणाक । मागीर दया येवन जगजेठीक । हाडटा घडोवन संतभेट ॥३१॥ तशेंच त्या भक्ताचें जालें । पळोवन ताचे हाल जाल्ले । इश्टांनी ताका कितें सांगलें । आयकात तें आतां श्रोत्यांनो ॥३२॥ कित्याक तूं वचना शिरडीक । समर्थ साईनाथांच्या दर्शनाक । धर वचून तांच्या चरणांक । सांग दुख्ख त्या दयाघनाक ॥३३॥ खीण एक संतसांगात मेळटा । चंचल मन निश्चल जाता । रोखडेंच हरिचरणांक लागता । मागीर कुस्तार तें परतुपाक ॥३४॥ देशोदेशीचे लोक वतात । साईंच्या चरणांक लागतात । म्हाराजांचे आज्ञेंत वागतात । खुशाल जातात करून सेवा ॥३५॥ अशी तांची नामना कीर्त । जाणटीं भुरगीं सगल्यांक खबर । येतकूच तांकां काकुळट । दुख्ख पयस जातलें तुमचें ॥३६॥ शिरडी सध्याचें पवित्र स्थान । लोक येतात पयस पयसच्यान । तुमीय पळयात अणभव घेवन । संतदर्शन हिताचें ॥३७॥ दळडिरो खंती दुकळांत । अचकीत मेळचें ताका धन उपाट । जीव आसतना भुकेन तळमळत । मेळचीं [3]पांच परखन्नां ॥३८॥ तशी इश्टान खबर सांगली ।

१. इत्शीत वस्त दिवपी झाड. २. लुकसाण. ३. साकरभात, जिलबी, पुन्नपोळी अशीं पांच पक्वान्नां.

आयकून भक्ताक ती मानवली । अणभव घेवपाची इत्सा जाली । धरलो रस्तो शिरडीचो ॥३९॥ आयलो गांवांत घेतलें दर्शन । घालें पांयांचेर लोटांगण । दुकां गळ्ळीं दोळ्यांतल्यान । जालें मन खुशालभरीत ॥४०॥ जें पूर्णब्रह्म सनातन । स्वयंज्योती निरांजन । पळोवन अशें साईंचें ध्यान । धादोसलें मन ताचें ॥४१॥ दिसलें पूर्वपुण्यायेच्याच भाग्यान । मेळ्ळे हाताक हे साईंचे चरण । मनाक जालें समाधान । जालो हुसक्यामेकळो दर्शनान ॥४२॥ आडनांव जांचें साठे । मनांत निश्चेवाचे मोठे । गुरूचरित्र पारायण [1]नेटे । आरंभलें नेमनिश्टेन ॥४३॥ सप्ता जालो पूर्ण । ते रातीं बाबांनी दृश्टांत दिवन । अर्थ सांगलो साठ्यांक समजावन । घेवन पोथी ती हातांत ॥४४॥ स्वता आपल्या आसनार बसून । फुड्यांत साठ्यांक बसोवन । गुरूचरित्राची पोथी घेवन । निरुपण केलें तत्पर ॥४५॥ बाबा ग्रंथाचें आवर्तन करीत । पुराणीक कशे कथा सांगीत । साठे श्रोत्या भशेन शांत चित्त । आयकताले गुरूकथा आदरान ॥४६॥ हें कितें अशें उरफाटें । विचारांत पडले साठे । दिसलें तांकां अजाप मोटें । आयलो उमाळो प्रेमाचो ॥४७॥ अज्ञानरुपी काळोख उशा कडेन । दवरून जे माने कडेन । घोरेत पडल्यात वासने [2]कडेन । जागयता तांकां तूं दयाळा ॥४८॥ असल्याय वेळार पळयात । मारून फाटीर हात । गुरूचरित्ररुपी तें अमृत । पियेवपाक दिलें कृपाळा ॥४९॥ आसूं, असो जातकूच दृश्टांत । जाले जागे साठे अचकीत । सांगली काका दीक्षितांक त्वरीत । पूर्ण खबर घडली तशी ॥५०॥ म्हणलें कळना हाचो अर्थ । जाणटात एक बाबा समर्थ । कळना कितें तांच्या मनांत । काका तुमीच विचारात तांकां ॥५१॥ परत [3]पारायण सुरू करचें । काय जालें तितलेंच पुरो समजुचें । बाबांचें मत विचारचें । तेन्नाच जातलें समाधान ॥५२॥ काकांनी मागीर संद पळोवन । सांगलें बाबांक तें सपन । देवा तुमी असो

---

१. नेटान. २. वासनेक वेंगावन. ३. गुरूचरित्राचें.

दृश्टांत दिवन । सांगलें कितें साठ्यांक ॥५३॥ सप्ता असोच सुरू दवरचो । काय इतल्याचेरूच थांबोवचो । दृश्टांताचो अर्थ तुमीच सांगचो । दाखोवचो मार्ग तांकां आतां ॥५४॥ इतलीच म्हजी चरणांचेर विनंती । साठे व्हड भक्त भावार्थी । कृपा तुमी तांचेर करची । पूर्ण करची इत्सा तांची ॥५५॥ बाबांनी मागीर आज्ञा केली । ''जावं दी आनीक एक आवृत्ती । वाचतकूच ही गुरूची पोथी । भक्त जातात निर्मळ ॥५६॥ हे पोथयेचें पारायण । करतकूच जातलें कल्याण । जातलो परमेश्वर प्रसन्न । संवसार बंधन सुट्टलें'' ॥५७॥ बाबा जेन्ना हें करताले कथन । चेपतालों हांव तांचे चरण । भरलें अंतस्कर्ण अजापान । आयकून उतरां तीं श्रीसाईंचीं ॥५८॥ बाबा तरी हे अशे कशे । साठ्यांक फळ त्वरीत कशें । म्हजेच बाबतींत कित्याक अशें । वाट पळयतां हांव वर्सांचीं वर्सां ॥५९॥ एकूच पारायण गुरूचरित्राचें । केलें साठ्यांनी सात दिसांचें । चल्लां चाळीस वर्सां पारायण जाचें । विचार ताचो जायना कित्याक ॥६०॥ एकल्याक फळ दिसांनी सात । दुसऱ्याचीं फुकट वर्सां [1]सात । चातका भशेन हांव पळयतां वाट । केन्ना हे करतले दया म्हजेर ॥६१॥ येतलो केन्ना असो दीस उदेवन । संतश्रेश्ठ हे जातले प्रसन्न । करीत मनाची म्हज्या उमेद पूर्ण । दीत काय ते म्हाका उपदेश ॥६२॥ श्रीगुरू साई हे भक्तवत्सल । पळयात तांचें कितलें नवल । म्हज्या मनाची ही घालमेल । वळखली तांणी तत्काळ ॥६३॥ अशाच अज्ञानाच्या पोटांत । कोट्यांनी कोटी बऱ्यो वायट । खिणाखिणाक वान्सा उठ्ठात । त्या सगल्यांचेर नदर तांची ॥६७॥ ''मन चित्ता तें चिंतिना दुस्मान'' । हें जाणटात सगले जाण । हेर कोणूय जरी हे विशीं अज्ञान । वळखतात म्हाराज तत्काळ ॥६५॥ पूण ती आई भोव कृपाळ । पोटांत घालता वायट सकल । अनिंद्य पळोवन प्राप्तकाळ । तितल्यांक चालन दिता ती ॥६६॥ तेन्ना तें

१. बाबांचें दर्शन जाले उपरांतचीं सात वर्सां.

मनांतलें वळखून । बाबांनी म्हणलें म्हाका पळोवन । ऊठ त्या [1]शाम्या कडेन वचून । रुपया पंदरा घेवन यो ॥६७॥ बस तांचे कडेन खीणभर । उलयात दोगूय खुशाली खबर । दक्षणा दितलो ती घेवन मागीर । यो रोखडोच परतून ॥६८॥ साईनाथांक त्या दया येवन । निमीत दक्षणेचें करून । म्हणलें माग बेगोबेग वचून । रुपया शामा कडेन म्हजे खातीर ॥६९॥ जातकूच अशी आज्ञा । बसपाक मुखार कोणाची [2]प्राज्ञा । नाजाल्यार ती जातली [3]अवज्ञा । घेवन [4]अनुज्ञा उठलों हांव ॥७०॥ रोखडेंच तांचें घर गांठलें । शामरावूय भायर आयले । निकतेच ते न्हावन आयिल्ले । न्हेसताले तेन्ना धोतर ॥७१॥ निकतेंच जाल्लें न्हावन । सोवळें वस्त्र न्हेसून । घालताले धोतराची [5]चूण । मुखांत गुणगूण नामाची ॥७२॥ विचारलें असो मदींच खंयच्यान । आयला व्हय मशिदींतल्यान । दिसता कित्याक कांचेवल्ले भशेन । एकलोच आयज कसो कितें ॥७३॥ यो बस हांव आतांच न्हालां । हो पळय धोतर न्हेसतूच आयलां । देवाचेर उदक घालून येतां । ते मेरेन बस तूं शांत हांगा ॥७४॥ ते मेरेन खा विडोपान । रोखडोच येतां देवळांत वचून । मागीर करुया खबरो बसून । शांत मनान सवकासायेन ॥७५॥ माधवराव गेले भितर । दिसली थंयच जनेलाचेर । आसली [6]नाथभागवताची पोथी सुंदर । सहज घेतली हातांत ॥७६॥ उमळशिकेन ग्रंथ उगडलो । अजापीत जंय आरंभ केल्लो । सकाळीं जो अर्दकुटो दवरिल्लो । आयलो ज्युस्त भाग तोच ॥७७॥ अजाप व्हड मनाक दिसलें । सकाळीं वाचन जें आळसायेन सोडिल्लें । बाबांनी तें पूर्ण करून घेतलें । वांगडाच लायलें [7]नियमनूय ॥७८॥ नियमन म्हणल्यार नेमान वाचन । जाले बगर पुराय [8]परिशीलन । सदांचो नेम अर्दकुटो दवरून ।

---

१. माधवराव देशपांडे. २. सामर्थ्य. ३. आज्ञेचो अपमान. ४. संमती. ५. मिरयो. ६. भागवताच्या इकराव्या स्कंधा वयली एकनाथ महाराजांची मराठी विस्कटावणी. ७. शिस्त. ८. अभ्यास.

उठचें न्हय केन्नाच ॥७९॥ आतां थोडीशी उपकथा । ओगानूच आयल्या म्हूण सांगतां । आयकात श्रोत्यांनो आदरान आतां । ह्या नाथभागवता संबंदान ॥८०॥ तें हें नाथभागवत । गुरूभक्ती रसान भरलां पूर्णतः । साईकृपापात्रभूत । दीक्षित वाचीत नेमान ॥८१॥ जगाच्या उद्धारा खातीर । नारायणान जें ब्रह्म्याच्या जाग्यार । पेरलें जें नारदक्षेत्रीं ताणें मागीर । हाडलें बीं कणसाक ॥८२॥ ज्या क्षेत्राची धाय वटांनी । केली कापणी व्यासानी । परिक्षितीच्या खळ्यांत मळून शुक्राचार्यानी । केली निवड कणसांची ॥८३॥ स्वामी श्रीधरान तें आसुडलें । स्वामी जनार्दनान मापलें । भरपूर गोडधोडशें ताचें केलें । नाथप्रताप जेवण ॥८४॥ अध्याय इकरावो तातूंतलोच जाण । भक्तीप्रेम सुखाची खण । तें हें [1]बत्तीसखणी वृंदावन । वाचताले दीक्षित नेमान ॥८५॥ दिसाचें ताचें करीत पारायण । रातीचें वाचीत भावार्थरामायण । होय ग्रंथ गुरू आज्ञा म्हणून । जालो प्रमाण दीक्षितांक ॥८६॥ भक्तीसूख अमृताचें सार । ज्ञानेश्वरीचो दुसरो अवतार । तो हो नाथांचो मूर्त उपकार । महाराष्ट्राचेर अफाट ॥८७॥ करून फांतोडेर न्हाण । नित्य नेमाचें साईपुजन । हेर देव देवतार्चन । निवेद्य निरांजन दाखयतकूच ॥८८॥ मागीर श्रोत्यां वांगडा सविस्तर । दुदाचो निवेद्य थोडो फलाहार । करतकूच नित्यक्रमा प्रमाण । पोथी आदरान वाचताले ॥८९॥ सहस्र पारायणां जाचे गोडयेन । भगवत्परायण तुकारामान । केलीं [2]भंडाऱ्याचेर एकांतान । कितली वर्णुची गोडी ती ॥९०॥ हो महाप्रासादीक दिव्य ग्रंथ । दीक्षित शिश्य निश्ठावंत । म्हणून लोकांच्या उद्धारा पासत । केली आज्ञा श्रीसाईंनी ॥९१॥ वच्चें पडना अटंग्या रानांत । भगवंत प्रगट्टा [3]उद्धवगीतांत । श्रद्धाभक्तीन जे पारायण करतात । भगवंत प्राप्ती दुबाव विरयत ॥९२॥ महाभारतांत

---

१. जाका बत्तीस अध्याय आसात अशें. - ह्या अध्यायाचे अखेरेक दिल्ली टीप वाच्ची. २. ह्या नांवाचो एक दोंगर.

३. ह्या इकराव्या अध्यायाक 'उद्धवगीत' अशें म्हणटात.

संवाद कृष्ण अर्जुनाचो । ताचे परसूय चड बरो हो कृष्ण उद्धवांचो । ह्या भागवतांत तो उपदेश साचो । प्रेमळ उतरां नाथांचीं ।।९३।। आसूं, असो हो [१]प्रासादीक ग्रंथ । ज्ञानदेव ज्ञानेश्वरी बरोबरींत । समर्थ कृपाळू श्रीसाईनाथ । घेताले नित्य वाचून शिरडींत ।।९४।। सखाराम हरी जोग । तांकां हो बाबांचो [२]नियोग । साठ्यांच्या वाड्यांत हो योग । भक्तांक उपयोग व्हड हो ।।९५।। दीसपट्टें ह्या ग्रंथाचें श्रवण । बाबा घेताले करून । आपल्या भक्तां खातीर कळवळून । इत्शेन तांच्या कल्याणाचे ।।९६।। अनुग्रह शैली बाबांची अगाध । भोंवतणच्या वाठारांतल्या भक्तांक उपदेशीत । भक्त आसूं लागीं वा पयसुल्ल्या गांवांत । बाबा मनांतल्यान लागींच ।।९७।। आपूण जरी मशिदींत बसत । कोणाकूय कसलेंय काम दीत । ते खातीर ताका शक्तूय दीत । करून घेत कार्य आपलें ।।९८।। बापूसाहेब जोगां कडल्यान । घेताले वाड्यांत पोथी वाचून । ते ती वाचीत नित्य नेमान । श्रोतेय येताले आयकुपाक ।।९९।। जोगूय दनपारचें जातकूच जेवण । नित्य वचून बाबां कडेन । बिबूत घेताले वंदून चरण । मागताले आज्ञा पोथी वाचपाची ।।१००।। केन्ना वाचन ज्ञानेश्वरीचें । केन्ना नाथभागवताचें । खोसयेन करीत पारायण तांचें । विस्कटावन सांगीत अर्थ श्रोत्यांक ।।१०१।। अशी मान्यताय मेळ्ळे उपरांत । भक्त जे बाबांक मेळपाक येत । कितल्याशाच जाणांक धाडीत । आयकुपाक पोथी बेगोबेग ।।१०२।। केन्ना थोडे भितर गजाल सांगीत । श्रोते ती सांठयता म्हणसर कानांत । अचकीत म्हणटाले उठात चलात । पोथी आयकुपाक वाड्यांत ।।१०३।। श्रोते भावार्थान वतकूच आयकुपाक । थंयूय येवचें तेंच कथानक । जें आदले कथेचे दृढटायेक । अर्थबोधकतायेक करतालें पूर्ण ।।१०४।। ज्ञानेश्वरांची ज्ञानेश्वरी । वा एकनाथांची स्पश्ट वाणी । बाबांच्योच कथा अणकारी । श्रोत्यांक अजाप तें व्हड ।।१०५।। कसलेय

१. व्हडांच्या आशिर्वादान मेळिल्लो. २. आज्ञा.

पोथयेचो अमुकूच भाग । वाच्चो असो नासतनाय नियोग । आदीं सांगिल्ले कथेचोच सुयोग । पोथयेंत जोग वाचताले ॥१०६॥ भगवद्गीता भागवत । मुखेलपणान हेच दोन ग्रंथ । भागवतधर्माचें सारभूत । जोग हें नित्य वाचीत ॥१०७॥ गीता ज्ञानेश्वरी टिका । जिचें नांव 'भावार्थदीपिका' । भागवत इकरावो स्कंध [1]निका । परमार्थ भुमिका नाथांची ॥१०८॥ आसूं, ह्या नित्यक्रमा नुसार । भागवत वाचनाचो प्रचार । हांवूय तें वाचतालों निरंतर । पडलें अंतर त्याच दिसा ॥१०९॥ कथा एक अर्दीच वाचली । [2]मंडळी मशिदींत वचपाक गेली । वाचतां वाचतां पोथी दवरली । धांव मारली हांवेंय थंय ॥११०॥ बाबांच्या गोश्टींची आस मनांत । बाबा मात दुसरेंच येवजीत । हेर खंयच सोडून भागवत । नासली तांकां खुशालकाय ॥१११॥ म्हणुनूच रोखड्यारोखडें । वाचून घेतलें आसुंये भागवत [3]उरिल्लें । अशें हें बाबांचें कवतूक मोटें । वाडटा भक्ती त्या उगडासांतल्यान ॥११२॥ आसूं, भागवती कथा सोंपली । उपकथाय थंयच आटापली । शामाची पुजा पूर्ण जाली । आयले ते भायर मागीर ॥११३॥ बाबान तुमकां रेकाद दिला । तोच हांव घेवन आयलां । पंदरा रुपया हाड म्हणल्या । दक्षणा तुमचे कडल्यान ॥११४॥ बशिल्लों हांव सेवा करीत । बाबांक तुमची याद अचकीत । म्हणलें म्हाका ''ऊठ शामा कडेन वच । हाड दक्षणा तांचे कडल्यान'' ॥११५॥ ''बस म्हणलें तुमच्या घरांत । खीणभर गजाली करात । तुमी दिल्ले दक्षणे सयत । परत यो तूं बेगोबेग'' ॥११६॥ माधवरावांनी हें आयकलें । भोव खुशालभरीत ते जाले । पूण फकत नमस्कार करून म्हणलें । हीच दक्षणा आमची ॥११७॥ हातूंतल्यान एक बरें जालें । पंदरा नमस्कार पदराक बांदले । पूण तत्काळ खबरेक येवपाक सांगलें । रेकाद आसा म्हूण बाबांचो ॥११८॥ कितें गोश्टी सांगपाच्यो सांगात । कानांचें म्हज्या पांगळेपण

१. पवित्र. २. भक्त. ३. सदांच्या पाठा मदलो वाचपाचो उरिल्लो भाग.

फेडात । बाबांचे निर्मळ यशगंगेक । पापी म्हेळी करूं कित्याक ॥११९॥ मागीर शाम्यान बसपाक सांगलें । ह्या देवाचो खेळूच असो म्हणलें । तुमीय हें जाणटात सगलें । खीणभर सुसेग घेयात हांगां ॥१२०॥ घेयात हें पान, हो कात । चुनो सुपारी आसा डब्यांत । येतां हांव खीणभरांत । तोपी माथ्याक घालून ॥१२१॥ अगाध लिला ह्यो श्रीसाईंच्यो । कितल्यो म्हूण तुमकां सांगच्यो । आमी कितें पळयल्यात थोड्यो । शिरडींत हे येत सावन ॥१२२॥ हांव तरी फकत खेडवळ । तुमी शारांत रावपी सकळ । साईंच्यो ह्यो लिला अकळ । नकळो तुमकां सांगच्यो कश्यो ॥१२३॥ येतां म्हणून घरांत गेले । देवाक फूल पान ओंपलें । रोखडेच तोपी घालून आयले । बसले उलयत म्हजे कडेन ॥१२४॥ कितली देवाची अतर्क्य लिला । कोणाक कळत तांची [1]कळा । अंत ना तांच्या खेळा । खेळुनूय खेळूंक नाशिल्ले भशेन ॥१२५॥ कितले तुमी हुशार गिन्यानी । एका परस एक ज्ञानी । आमी गांवढळ अडाणी । चरित्र बाबांचें कळटलें कशें ॥१२६॥ सांगिनासतना कसलीच खबरबात । आमचे कडेन कित्याक म्हूण ते धाडटात । तांची करणी तेच जाणटात । न्हय ही करणी मनशाची ॥१२७॥ आतां आयलाच जेन्ना विशय । गजाल एक जाली यादूय । उलोवया तिचेरूच खीण कांय । जातलो वेळ पासार ॥१२८॥ प्रत्यक्ष आमचे नदरे मुखार । घडिल्लो जो एक प्रकार । जाच्या मनांत जसो निर्धार । तसो ते व्हरताले तडीक ॥१२९॥ केन्ना केन्ना बाबाय कितले । सोंशीकसाण मनशाची पळयताले । भक्ती प्रेम कसवटेक लायताले । मागिरूच दिताले उपदेश ॥१३०॥ 'उपदेश' उतर पडटकूच कानांत । गुरूचरित्रकथा जी सांठे वाचीत । याद जाली तिची अचकीत । जोगूल पडचें तशी गत म्हजी ॥१३१॥ नासत मूं ही शामाची येवजण । मशिदींतलें म्हजें चंचल मन । ताका थिराय हाडपाच्या हेतान । अघटीत घटना

---

१. कुशळटाय.

बाबांची ॥१३२॥ आसूं, दुबावाची जी पाल चुकचुकली । तशीच मनांत दामून दवरली । कथा आयकुपाची उमळशीक लागली । पूर्तताय तिची करुया आदीं ॥१३३॥ मागीर गजाली बाबांच्यो । थोड्यो थोड्यो सुरू जाल्यो । उमेदीच्यो फुल्ल्यो पाकळ्यो । पळोवन प्रेम भक्तां वयलें ॥१३४॥ फुडें आनीकूय कथा सांगली । एक देशमुखीण अस्तुरी आसली । पळयात तिच्या आयलें चित्तीं । करचो संतसांगात ॥१३५॥ आयकून श्रीसाईंची कीर्त । संगमनेरच्या लोकांचो धरून सांगात । आयली ती शिरडी गांवांत । दर्शना खातीर बाबांच्या ॥१३६॥ खाशाबा देशमुखाची ती आई । नांव तिचें राधाबाई । भक्ती दवरून साईंच्या पांयीं । घेतलें दर्शन भक्तीन ॥१३७॥ दर्शन घडलें खुशालकायेन । गेली वाटेची तकालस शीण । वाडलें श्रीचरणां विशीं आपलेपण । स्मरली इत्सा मनांतली ॥१३८॥ आशिल्लें ठाम तिच्या मनांत । गुरू करचे साई समर्थ । करतले तेच उपदेश यथार्थ । परमार्थ घडटलो तातूंतल्यान ॥१३९॥ जाणटी बरीच ती अस्तुरी । बाबांचेर तिची निश्ठा भारी । मेळचो उपदेश कितेंय तरी । निर्धार मनांत केल्लो असो ॥१४०॥ बाबा जे मेरेन आपणाक स्वतंत्र । दिवचे नात कानमंत्र । थारावचे नात कृपेक पात्र । ते मेरेन खंयच वचप ना ॥१४१॥ मेळचो साईमुखांतल्यानूच मंत्र । दुसरे कडेन घेतल्यार तो अपवित्र । श्रीसाई संतांचे संत पवित्र । अनुग्रहाक पात्र करचें म्हाका ॥१४२॥ असो करून मनांतल्यान । ठाम निर्धार ते अस्तुरेन । सोडलें खाणजेवण । बसली धरणें धरून ॥१४३॥ आदींच पिरायेन जाणटी । तातूंत अशी ही हट्टी । अन्न उदक ना पोटीं । उपदेशाची भूक तिची ॥१४४॥ सेगीत तीन दीस तशीच । म्हातारी रावली उपाशींच । उपदेश जातलो तेन्नाच । धरणें सोडपाच्या निर्धारान ॥१४५॥ मंत्रउपदेश घेतले बगर । कित्याक म्हूण येवप हांगासर । उपदेश मेळ्ळोना जाल्यार । धरणें सोडप ना ह्या निश्चेवान ॥१४६॥ अन्न उदक बंद केलें । अशे तीन दीस गेले । तरीय बाबांचें ना लक्ष गेलें । जाली दुख्खी

ती अस्तुरी ॥१४७॥ माधवराव हुसक्यांत पडले । कितें करचें कळना जालें । ओगी बसपूय जमना जालें । अस्तुरेक भिरांत ना मरणाची ॥१४८॥ मागीर ते वचून मशिदींत । बसले बाबां कडेन उलयत । दीसभराची खबरबात । आदरान ते विचारताले ॥१४९॥ ''शामा, आयज कितें विचार । बरो आसा न्हय समाचार । तो नारायण [1]तेली जाला पिशांतूर । छळटा म्हाका गरजे भायर'' ॥१५०॥ पळोवन अस्तुरेचो निर्धार । शामा आदींच आसलो बेजार । कितें काडचो उपाय तिचेर । विचारलें तांणी बाबांक ॥१५१॥ देवा ही लिला कसली आनीक । खेळ तुमचो कळना हेरांक । तुमी गांवांत हाडटात मनशां एकेक । थातारचीं पडटात आमकां ॥१५२॥ ती देशमुखीण अशी । अन्न उदका बगर कशी । बसल्या तीन दिसांच्यान उपाशीं । दवरून श्रद्धा तुमचेर ॥१५३॥ अस्तुरी ती हट्टी परम । तुमच्या पांयांचेर निश्ठा ठाम । तरीय तुमी कित्याक म्हणून । करतात कश्टी तिका अशी ॥१५४॥ आदींच ती सुकिल्ली बडी । हट्टाक पेटल्या बावडी । अशीच उपाशीं रावल्यार रोखडी । करतली लागीं मरणाक ॥१५५॥ म्हणटले म्हातारी गेली दर्शनाक । मागलो फकत उपदेश एक । आयलिना काकुळट बाबा साईंक । उडयली तिका मारून ॥१५६॥ बाबा असो पडचो न्हय [2]प्रवाद । सांगून तिका तिचो हितवाद । दिनात कित्याक तिका प्रसाद । आळ हो तुमचेर येवचो न्हय ॥१५७॥ आंगांत उरूंक नात त्राण । फुगार जातलो प्राण । म्हातारी वतली मरून । येतलें अपसरण तुमचेर ॥१५८॥ अस्तुरेचें खर व्रत । आमी जाल्यात चिंतेस्त । दुर्दैवान जर ती मरत । प्रसंग वायट जातलो तो ॥१५९॥ अस्तुरी पेटल्या हट्टाक । केलोना जर तिका उपदेश । लागना तिची म्हाका धडगत । सांगात आतां तिका कितेंय तरी ॥१६०॥ हांगाच आटापतां शीम अध्यायाची । फुडलें आयकुपाची इत्सा श्रोत्यांची । फुडल्या

१. 'नारायण तेली' हें उतर चड करून कसलेय दुश्ट प्रवृत्तीक धरून साईबाबा वयलेवयर म्हणटाले. २. लोकांक चर्चेक विशय.

**अध्यायांत पूर्तताय तिची । जातली गोड जावन ॥१६१॥ मुखार तिका व्हडा प्रेमान । उपदेश जो केलो बाबान । आयकल्यार तो आदरान । पयसावतलें अज्ञान श्रोत्यांचें ॥१६२॥ हेमाड श्रीसाईंक शरण । श्रोत्यांक घालता लोटांगण । थोड्याशा यत्नांनी संवसार तरण । जायात तत्पर आयकुपाक ॥१६३॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । म्हाकां अनुग्रह नांवाचो हो अठरावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥**

**॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥**

❍ ❍ ❍

---

**टीप :** हांगा एकनाथी भागवतांत 32 अध्याय आसात अशें म्हणलां, ते चुकीचें आसा. महाराष्ट्र सरकारान 1971त उजवाडायिल्ल्या श्रीएकनाथी भागवताच्या ग्रंथांत 31च अध्याय आसात. तशेंच श्री. रामचंद्र कृष्ण कामत संपादीत आनी केशव भिकाजी ढवळे प्रकाशीत, 1985 वर्साचे आवृत्तिंतूय 31च अध्याय आसात. कळटा ते प्रमाणें, हेमाडपंत हांच्या सदांच्या वाचनांत श्री. लक्ष्मण रामचंद्र संपादीत आनी तुकाराम जावळी, निर्णय सागर प्रिंटिंग प्रेस हांणी 1910त उजवाडायिल्ली आवृत्ती आसताली. तातुंतूय 31च अध्याय आसात. स्वता हेमाडपंत हांणी 'श्रीसाईलीला' च्या वर्स 5वें, अंक 6, 7, 8 पान 729 चेर एकनाथी भागवत आनी भावार्थ रामायण आनी साईमहाराज हांचे कडेन संबंदीत आपल्या लेखांत एकनाथी भागवतांत 31 अध्याय आसात अशें नोंद केल्लें आसा.